# नवी दिल्लीत ‘भारत पर्व, उत्सवात गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत

ता. 27 जानेवारी 2026

नवी दिल्लीत  लाल किल्ल्या सामकार आयोजीत “भारत पर्व 2026” उत्सवात  “स्वतंत्रता का मंत्र-वंदे मातरम्” ह्या संकल्पेवयलो गोंय राज्याचो चित्ररथ प्रदर्शीत केला. प्रजासत्ताक दीस उत्सवाचो भाग म्हूण भारत सरकारच्या पर्यटन मंत्रालया वतीन भारताची संस्कृती, कला, खाणांजेवणां आनी अध्यात्मिक वारशाचेर भारत पर्व उत्सव आयोजीत करतात. भारत पर्व उत्सव 31 जानेवारी 2026 मेरेन लोकांखातीर उकतो आसतलो.

केंद्रीय संरक्षण मंत्रालय आनी राज्य सरकारामदी  प्रजासत्ताक दीस संचलनात राज्य/संघप्रदेशांचे चित्ररथ निवड करपाची प्रक्रिया आनी नेमांच्या कबलाती प्रमाण ह्या वर्सा गोंयचो चित्ररथ भारत पर्व उत्सवात प्रदर्शीत केला.

विविधतायेत एकता ह्या भारतीय भावनेचो सुवाळो मनोवपाखातीर “भारत पर्व” उत्सवाचे आयोजन केला. ह्या देशभक्तीच्या उत्सवातल्यान देशाच्या समृध्द आनी विविधतायेच्या संस्कृतीचे दर्शन घडटा.

नवी दिल्लीत देशाच्या राजधानीत आयोजीत “भारत पर्व” उत्सवात प्रदर्शीत केल्लो गोंयचो चित्ररथ फोंडे वाठारांतले नामनेचे कलाकार श्री. सुशांत खेडेकार हांणी तयार केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखालच्या राज्य निवड समितीन चित्ररथाच्या आराखड्याची निवड केल्ली. गोंय मुक्ती चळवळ, सत्याग्रहींचे योगदान, इतिहासीक आग्वाद बंदखणीची प्रतिमा, अशोक स्तंभ, स्वतंत्र भारत मातेची प्रतिमा आनी गोंय मुक्ती चळवळीत म्हत्वाची भुमिका आशिल्लें डॉ. राम मनोहर लोहिया हांची प्रतिमा चित्ररथा वरवीं प्रदर्शीत केल्या. तशेंच घोडेमोडणी, पारंपरीक लोकनाच आनी हेर वारशाचें दर्शन घडटा.

गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीत राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात जाले. श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या देखरेखीखाला कलाकारांनी  चित्ररथ तयार करपाचे काम केले. चित्ररथाक डॉ. साईश देशपांडे हांचे संगीत लाभला. भेसवण संगीता खेडेकर जाल्यार लोकनाचाची जबाबदारी दिनेश प्रियोळकर हांणी सांबाळल्या.

“भारत पर्व” उत्सवात हेर राज्यां आनी संघप्रदेशांतल्या स्टॉलांसयत गोंय सरकारच्या पर्यटन खात्यान राज्यातल्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर स्टॉल घातला.

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन  “भारत पर्व” उत्सवात गोंयचो चित्ररथ  प्रदर्शीत केला.

म्हा /सप/    / विगां/ 2026/71

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.